गोड, गोड गीतां - १

(बालगीतां)

मनोहरराय सरदेसाय

SHETH
PUBLISHERS PVT. LTD.

गोड, गोड गीतां - १

(बालगीतां)

मनोहरराय सरदेसाय

SHETH
PUBLISHERS PVT. LTD.
Educational Publishers
"PALLAV-KUNJ", Borda, Margao, Goa.
✆ 23436

Sheth Publishers Private Limited

Regd. Office & Show Room	:	296, Sopariwala Estate, Tata Road No. 2, Off. Raja Ram Mohan Roy Road, Opp. Central Cinema, Bombay - 400 004.
Goa Office	:	"PALLAV-KUNJ", Borda, Margao, Goa.
Pune Office	:	302, Mahalaxmi Chambers, 3rd Floor, Appa Balwant Chowk, 23, Budhwar Peth, Pune - 411 002.

Price : Rs. *10.00 only*

First Edition : *June, 1991*

Published By : **Sheth Publishers Private Ltd.,** 296, Sopariwala Estate, 1st Floor, Tata Rd. No. 2, Opp.Central Cinema, Bombay-400 004.

भा - भा - भाकरी
सा - सा- साय,
बा - बा- बाबूक
जा - जा- जाय.

यो रे बाबू
यो रे बाबू
हांस, हांस, हांस
हांस, हांस, हांस,
बाबू बरो हांसल्यार
बाबू बरो हांसल्यार
भोबे दितां पांच
भोबे दितां पांच.

यो रे बाबू
यो रे बाबू
नाच, नाच, नाच
नाच, नाच, नाच,
बाबू बरो नाचल्यार
बाबू बरो नाचल्यार
भोबे दितां पांच
भोबे दितां पांच

–बिलूबाय, बिलूबाय
कोणें खाली साय ?
–म्हाका बाबा खबर ना
हांव गेल्लें कुस्मणा.

ऊड, ऊड कावळ्या
ऊड, ऊड, ऊड,
बूड, बूड बांगड्या
बूड, बूड, बूड,
धांव, धांव पाडका
धांव, धांव, धांव,
बुकल्या आमगेर
राव, राव, राव.





घूम, घूम घुमटा
घूम, घूम, घूम,
ढूम, ढूम, धोलक्या
ढूम, ढूम, ढूम,
टूम, टूम तबल्या
टूम, टूम, टूम,
छूम, छूम घुंगरा
छूम, छूम, छूम.

—बिलूबाय, बिलूबाय
खंय गो आशिल्लें ?
—मामान तुज्या हाडलां मेमें
राखूंक बशिल्लें.

ताळी वाजय, ताळी वाजय
टप, टप, टप,
उखल पांय, उखल पांय
झप, झप, झप,
नाच गो बाय, नाच गो बाय
छन, छन, छन,
वाजय घांट, वाजय घांट
ढण, ढण, ढण.

भागूबाय, भागूबाय
भाकरी भाजता काय ?
भागूबाय, भागूबाय
आमकां दिता काय ?
साळूबाय, साळूबाय
सान्नां करता काय ?
साळूबाय, साळूबाय
आमकां दिता काय ?



यो रे, यो रे कावळ्या
काव, काव, काव,
आमच्या आंगणांत
राव, राव, राव.
यो रे, यो रे माकडा
हूप, हूप, हूप,
आमगेर तोरां
खूब, खूब, खूब.
यो रे, यो रे हुंदरा
चीं, चीं, चीं
सगलीं भुरगीं
वळखीचीं.

आरे आरे बाबू
खंय रे तुजो शाबू ?
शाबू पडलो कुळण्यांत
बाबू खेळटा पाळण्यांत.



बुकी कितें सांगता ?
म्यांव, म्यांव, म्यांव.
कावळो कितें मागता ?
काव, काव, काव.
वाग कसो तिडटा ?
हांव, हांव, हांव.
बाबू कसो रडटा ?
क्यांव, क्यांव, क्यांव.



सुणो कसो भोंकता ?
भूक, भूक, भूक,
गाडी कशी धांवता ?
झूक, झूक, झूक.
बोकडी कशी रडटा
में, में, में,
बाबू कितें करता ?
पें, पें, पें.

नाताशा, नाताशा
करता मगो च्या ?
सगलीं आमी आयल्या तुगेर
भुरगीं धाकटीं धा.
धा, धा, धा, धा,
भुरगीं धाकटीं धा.

बाबू, बाबू धांव रे
लुटू, लुटू, लुटू,
बाबू, बाबू दुदू पी
गुटू, गुटू, गुटू.
बाबू, बाबू चोय रे
बिटी, बिटी, बिटी
बाबू, बाबू हांस रे
किटी, किटी, किटी.

हुंदीरमामा, यो रे हांगा
बाबूक म्हज्या चोय
बाबू म्हजो भाकरी खाता
तुका दिता सोय.

चिमणी बाय, चिमणी बाय
चिंव, चिंव, चिंव,
पावस बाये पावला लागीं
घर गे तुजें शिंव.

सगलो दीस
सगलो दीस,
घडयाळ करता
टीक, टीक, टीक,
सगलो दीस
सगलो दीस,
घडयाळ म्हण्टा
शीक, शीक, शीक.

लाल, लाल आबोलें
धवी दुदा – साय,
गोड, गोड साकर
तशें म्हजें बाय.

कुतू गेलो घरा
कोलो गेलो राना
बोकडी खाता पानां,
बोकडी खाता पानां.



लक, लक, दिवली
लकलकता, लकलकता,
चक, चक, चंद्रीम
चकचकता, चकचकता,
बड, बड, बाबू
बडबडटा, बडबडटा.

मामा करता कामां
बाय खाता साय,
बाबू, बाबू हांगा यो
पिपी कोणाक जाय ?

चांदीमामा, चांदीमामा
आमगेर यो,
घराक आमच्या
सात माळयो.
खा पोळयो
दी ताळयो
चांदीमामा, चांदीमामा
आमगेर यो.

सगलो गांव भोंवतां हांव
करीत काव, काव,
सांग रे म्हजें नांव बाबू
सांग रे म्हजें नांव.

अ आ इ

वावर-पटी

(बरोवपाक आनी चितारपाक)

SHETH
PUBLISHERS PVT. LTD.

अंक गणित

पयलें पावल

(अंक गणिताचें मुळावें गिन्यान)

SHETH
PUBLISHERS PVT. LTD.

SHETH
PUBLISHERS PVT. LTD.
Educational Publishers
Pallav-Kunj, Borda, Margao,
Goa - 403 601.
✆ 23436